Akashvani Panaji

Regional news

7.25 am 12 august 2025

शारां आनी उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी काल पेडण्यां नगरपालिकाच्या नव्या इमारतीचें उक्तावण केलें. इमारतीच्या पयल्या टप्प्यात  नगरपालिकेच्या प्रशाससकीय कार्यालयांचो आस्पाव आसा.  पेडणे नगरपालिकेच्या ह्या पयल्या टप्प्यातल्या कामाक सुमार 9 कोटी रुपया खर्च केल्या. पेडणे नगरपालिका इमारतीच्या उक्तावणासयत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी नुतनीकरण केल्ल्या सर्गेस्त रेशा माशेलकार पार्काचेंय उक्तावण केलें. कार्यावळीक पेडणे म्हालाचे थळावे आमदार प्रवीण आर्लेकार, पेडणे नगरपालिकेचे म्हापौर मनोज हरमलकर, उप- म्हापौर उषा नागवेकर, नगरसेवक तशेंच पेडणेचे नागरीक व्हडा संखेन हाजीर आशिल्ले. पेडणे शार कशें आसचें, नगरपालिकेच्या दुसऱ्या टप्प्यातल्या कामांत किदें साधन सुविधा आसच्यो, हांचेविशीं थळाव्या आमदारान, नगरपालिका मंडळ आनी थळाव्या लोकांवांगडा बसका घेवन थारावचें आनी तशी सुचोवणी आपल्याक करची अशें राणे हांणी ह्यावेळार उलयतना सांगलें. Byte

---

गोंयांत  अल्पसंख्यांक आयोगाची गरज ना अशे विधान आयज पंचायत मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी आयज केला.गोयात आशील्ल्या अल्पसंख्यांक नागरीकांक केंद्र तशेंच राज्य सरकाराच्या  सगल्या सरकारी येवजण्यांचो लाव मेळटा ताका लागुन गोयात तरी अशा आयोगाची गरज ना अशे मंत्री मावीन हांणी म्हणला. पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.वेगळो आयोग केल्यार ताचो कांयच उपेग जावचो ना .कांय राजकी पक्ष अशा आयोगाची स्थापणुक करपाची मागणी करून वाद तयार करपाक सोदतात. गोंयच्या अल्पसंख्यांकांक खंयच्या येवजण्यांचो लाव मेळटा ताची वळेरी ह्यावेळार मंत्री मावीन हांणी वाचुन दाखयली. ह्या पत्रकार परीशदेक आमदार रूदाल्फ फर्नाडीस तशेंच भाजपाचे फुडारी ग्लेन टीकलो हाजीर आशील्ले.

--------------------------------------------------------------------------------------------------------
------------------------------------

उत्तर गोंय लोकसभा मतदारसंघांतल्या पोरन्या गोंयच्या इला निवासी वाठारांत नव्यान बांदिल्ल्या बाल उद्यानाचें काल केंद्रीय नव आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी उक्तावण केलें. ह्या संदर्भार पोरन्या गोंय पंचायत सरपंच मेधा पर्वतकार, जिला परिषद वांगडी सिध्देश नाईक, भौशीक बांदकाम खात्याच्या अभियंते आनी थळावे लोक व्हड प्रमाणांत हाजीर आशिल्ले. ह्या संदर्भार उलयतना मंत्री नाईक हांणी सांगलें, राजकारण लोकांचे सेवे खातीर आसूंक जाय अशें उदात्त धोरण घेवन आपल्या खासदार निधींतल्यान लोकांक समाजीक उपेगी पडपी उदरगत प्रकल्प आपल्या मतदारसंघांत चालीक लायतात.

---

---

लोकसभे उपरांंत गोंंय एसटी प्रतिनिधीत्व विधेयक राज्यसभेत संंमत जाल्ल्यान आदिवासी समाजाचे सपन पुराय जाला. सबका साथ, सबका विकास, सबका विश्वास आनी सबका प्रयास या तत्वाचेर भाजप सरकार वावर करता, अशेंं मुखेलमंंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

---

एसटी समाजाक विधानसभेत आरक्षण दिवपाचे आस्वासन भारतीय जनता पक्षान दिल्ले. आता विधेयक दोनूय सभाघरात संंमत जाल्ल्यान आश्वासनाची पूर्तताय जाल्या, अशें प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांंणी सांंगलें.

---

गोंयात रस्तो अपघातांचे प्रमाण वाडला, ताका लागुन ह्या प्रस्नाचेर तोडगो काडपाच्य हेतान सरकारान पावला मारपाक सुरुवात केल्यात अशी म्हायती येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिली. ते पर्वरे मंत्रालयात रस्तो सुरक्षा समितीच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत उलयताले. रस्त्याच्या अशा अपघाती सुवातीचे काम करपाखातीर येरादारी खात्याक विशीश्ट निधी मेळ्ळा ,ह्या निधीतल्यान अपघात

जावपी रस्त्यचांर तक्ते लावप, तशेचं राज्यभरात कृत्तिं बुद्धिमता यंत्रणा उबारपाविंशी काम सुरु जाला अशी म्हायती मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी दिला.

---

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण राज्यात चडांत चड तापमान २९ अंश सिलसिस नोंद जाला जाल्यार उसात उणे तापमान २४ अंश सिलसिस नोंद जाला .

---

बॉक्सिंगांत आशियाई 19 आनी 22 वारसा सकयल्या गटांत बॉक्सिंग वस्तादपण सर्तींत काल बायलांच्या 80 किलो विभागांत रितिकान भांगरा पदक जिखलें.